**म्हायती खात्यात 9 सप्टेंबराक श्रीसत्यनारायण म्हापूजा**

ता. 4 सप्टेंबर 2023

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याची वर्सुकीं श्रीसत्यनारायण म्हापूजा शेनवार ता. 9 सप्टेंबर 2023 दिसा जातली. प्रत्येक वर्सा श्रावण म्हयन्यात खात्याच्या मनरिजवण क्लबावतीन श्रीसत्यनारायण म्हापूजा आयोजीत करपात येता. खात्याचे कर्मचारी श्री. पुरूषोत्तम आनी तांची घरकान्न श्रीमती पुनम परवार पूजेच्यो यजमान आसतल्यो. सकाळीं 9.00 वरांचेर पूजेच्या धार्मिक विधीक सुरूवात जातली. उपरांत आरती, भजन आनी तिर्थप्रसादाचो कार्यक्रम जातलो.

नागझरवाडो-भोम हांगाच्या श्रीकृष्ण नागझरकर बाल महिला भजनी मंडळा वतीन भजनाचो कार्यक्रम सादर करपात येतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/692

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.